गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय

पत्रक

## एचआयव्ही रूग्णांची काळजी घेवपाक सरकार केंद्राची स्थापना करतले-भलायकी मंत्री

ता. 30 नोव्हेंबर 2018
9 मार्गशीर्ष 1940

राज्यातल्या एचआयव्ही रूग्णांची काळजी घेवपाखातीर सरकार डिसेंबर 2019 मेरेन आधुनिक एचआयव्ही केअर केंद्राची स्थापणूक करतले, अशें भलायकी मंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी आयज संवसारीक एडस् दिसाच्या आदल्या दिसा संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा हयुमन टच् हांणी आयोजित पॉजीटिव्ह पॉवर समीट 2018 च्या उक्तावण कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगले.

एचआयव्हीची लागण जाल्ल्या मनशाक आनी खास करून भुरग्यांक साबार अडचणीक तोंड दिवचे पडटा. एचआयव्ही बादीत भुरग्यांक बरी जीण जगपाक मेळची म्हुण आवश्यक साधनसुविधा निर्माण करपाखातीर सरकार योग्य नवीन धोरण तयार करून राज्याच्या अर्थ संकल्पात निधीची तरतूद करतले. एचआयव्ही बादीत लोकांची काळजी घेवपाविशी आमी चड संवेदनशील जावपाची गरज आसा, अशेंय भलायकी मंत्र्यानी सांगले.

एडस् नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. जुजे डिसा हांणी राज्यात एडस् नियंत्रणाखातीर संस्थेवतीन करपात येवपी प्रयत्नांची म्हायती दिवन 2020 मेरेन गोंय एडस्मुक्त करपाची मोख आसा, अशें सांगले.

हयुमन टच् संस्थेचे संस्थापक श्री. पिटर बोर्जीस हांणी सांगले, गोंयात फाटल्या दोन वर्सात 610 एडस् बादीत लोक सापडल्यात. एचआयव्ही न्हय फकत लैंगिक संबंदाक लागून जाल्यार कामवासना, दुषीत रक्त, समलिंगी संबंदातल्यानय जाता. जर आमका एडस् हया जीवघेण्या दुयेंसाक सोपोवपाचे आसा जाल्यार आमी आमच्या मनाचेर ताबो दवरपाची खबरदारी घेवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

हया वेळार एडस् नियंत्रणाखातीर योगदान दिल्ल्या लोकांचो गोवा रेड रिबन वॉरियरान सन्मान केलो.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1778